# गोंय वेवसायिक सुरक्षा आनी भलायकी प्रदर्शनाचे आयोजन

ता. 25 मार्च 2025

कारखाने आनी बॉयलर्स निरीक्षक कार्यालया वतीन 10 ते 12 एप्रिल 2025 मजगती बांबोळी हांगाच्या डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी इनडोअर स्टेडियमात पयल्या गोंय वेवसायिक सुरक्षा आनी भलायकी प्रदर्शनाचे आयोजन करपात येतले.

वेवसायिक सुरक्षा आनी भलायकी क्षेत्रातले ज्ञान आनी उपाय येवजणांचेर चर्चा घडोवन हाडप, आधुनिक सुरक्षा तंत्रज्ञान, उपकरणां आनी उपायांचे प्रदर्शन आनी नवीन सुरक्षा उपाय धोरणां आनी सुदारणा करपाच्या प्रस्तावांचे समर्थन करप, वेवसायिकामदीं भौशीक सुरक्षा आनी जागरूकता वाडोवप, सुरक्षा उपायांविशींची आव्हानां जाणून घेवप आनी तांचेर उपाय करप हे ह्या तीन दिसांच्या कार्यक्रमाचे उद्दिश्ट आसा.

ह्या प्रदर्शन कार्यक्रमात प्रतिनिधी आनी अतिथी म्हूण सहभागी जावपाक नोंदणी करपा खातीर https://www.goaoshexposummit.com चेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/280

--

----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.